Panaji National 25th October 2025 8.40am

दिवाळीच्या सणा वेळार जीएसटी बचत महोत्सवाक लागून मागणी, उत्पादन आणि रोजगार वाढला, जाका लागून अर्थव्यवस्थेक चालना मेळ्या, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

वेंचणूक आयोगान राजकीय पक्ष, उमेदवार आणि प्रचार प्रतिनिधींक वेंचणुके वेळार कृत्रिम आणि एआय-निर्मित सामुग्रीचो जबाबदारपणान वापर करपाचे आवाहन केला.

रेल्वे सणाच्या दिसांची गर्दी मतींत घेवन फुडल्या तीन दिसांत 900 परस चड खाशेल्यो गाडयो चलयतली.

भारतीय तटरक्षक दळ (ICG)न गोवा शिपयार्ड लिमिटेडांत दोन प्रगत वेगवान गस्ती नौकांचे जलावतरण केले.

भारत आनी ऑस्ट्रेलिये हांचे मजगती आज तिसरी आनी निमाणी एका दिसाची आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मॅच जातली.

PM Rojgar – 90

दिवाळीच्या सणा वेळार जीएसटी बचत महोत्सवाक लागून मागणी, उत्पादन आणि रोजगार वाढला, जाका लागून अर्थव्यवस्थेक चालना मेळ्या, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. ते काल नवी दिल्ली सावन १७ व्या राष्ट्रीय रोजगार मेळाव्यात virtual रित्या उलयताले. जीएसटी बचत महोत्सवान सणाचो सिझन समृध्द केला, ह्या काळांत विक्रमी विक्री नोंद जाल्या अशे तांणी म्हळें. जीएसटींतल्या हालींच्या सुदारणांचेर भर दितना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, ह्या सुदारणांक लागून गिरायक बचत तर वादल्यात, तशेच फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांक लागून रोजगाराच्यो संदीय वाडत आसात. ह्यो नेमणूको फकत सरकारी नोकऱ्यो न्हय तर राष्ट्र निर्मितींत सक्रीयपणान योगदान दिवपाच्यो संदी अशें तांणी म्हळें.

Byte – 27

EC – 70

वेंचणूक आयोगान राजकीय पक्ष, उमेदवार आणि प्रचार प्रतिनिधींक वेंचणुके वेळार कृत्रिम आणि एआय-निर्मित सामुग्रीचो जबाबदारपणान वापर करपाचे आवाहन केला. वेंचणुकेच्या प्रचाराक वापरिल्लो वा प्रसारीत केल्लो खंयचोय कृत्रिमरित्या तयार केल्लो वा एआय-सुधारित फोटो, ऑडिओ किंवा व्हिडिओक एआय-निर्मित, डिजिटली तयार केलली किंवा सिंथेटिक सामग्री म्हणून चिन्हांकित करपाक सांगला, जे दृश्य प्रदर्शन क्षेत्राच्या किमान १० टक्के व्यापता.

ते भायर, अश्या सामग्रीत मेटाडेटा किंवा बरोबरच्या कॅप्शनात ताच्या निर्मितीखातीर जापसालदार आशिल्ल्या संस्थेचे नाव ठळकरित्या प्रदर्शित करपाक जाय.

Railway – 35

रेल्वे सणाच्या दिसांची गर्दी मतींत घेवन फुडल्या तीन दिसांत 900 परस चड खाशेल्यो गाडयो चलयतली. दिवाळी आनी छठ उत्सव मनयल्या उपरांत परतूपी प्रवाशांच्या सोयी खातीर स हजारां वयर खाशेल्या गाडयो अधिसूचित केल्या अशे रेल्वे मंत्रालयान सांगले.

ICG – 70

भारतीय तटरक्षक दळ (ICG)न गोवा शिपयार्ड लिमिटेदांत ICG ship अजित आणि ICG शिप अपराजित ह्या दोन प्रगत वेगवान गस्ती नौकांचे जलावतरण केले. स्वदेश निर्मित आठ वेगान गस्त घालपी जहाजां मदीं हीं जहाजां सातवीं आनी आठवीं अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां.ह्या जहाजांनी उत्कृश्ट गतिशीलता आनी प्रणोदन क्षमता आसा. नुस्तेमारी संरक्षण,किनारी गस्त, तस्करी विरोधी, चाचेगिरी विरोधी आणि शोध आणि बचाव कार्य यासारख्या बहु-कार्यात्मक भूमिकां करपाक ते सक्षम आसात.

Bihar – 135

बिहारांत विधानसभा वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीर मतदारांक आकर्शीत करपा हेतान एनडीए आनी महागठबंधनच्या स्टार प्रचारकांनी काल जायत्यो रॅली आनी रोडशो केले. या टप्प्यात ६ नोव्हेंबराक १८ जिल्ह्यां तल्या १२१ जाग्यांखातीर मतदान जातले.

भाजपाचे ज्येश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी समस्तीपूरांत वेंचणुकेची रॅली घेतली.

Byte – 24

मजगतीं, महागठबंधनाचे मुख्यमंत्रीपदाचे उमेदवार आनी RJD फुडारी तेजस्वी प्रसाद यादव हांणी पाटणांत पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें, बिहारांत तांची युती सत्तेर आयल्यार राज्यांतल्या बेरोजगारीची समस्या सोडोवपा खातीर पावलां उबारतले.

243 वांगड्यांच्या बिहार विधानसभेची वेंचणूक दोन टप्प्यांनी जातली. 11 नोव्हेंबराक दुसऱ्या टप्प्यांत 20 जिल्ह्यांतल्या 122 विधानसभा मतदारसंघांनी मतदान जातलें.

बिहार विधानसभा वेंचणुकेंत मतदान वाडोवपा खातीर पयलेच खेपे मतदान करपी आनी तरणाटे मतदार हांचेर खासा लक्ष दितात. अतिरिक्त मुखेल वेंचणूक अधिकारी प्रशांत कुमार हांणी आकाशवाणी न्यूजाक दिल्ले खाशेले मुलाखतींत स्वीपाचो एक भाग म्हूण मतदार जागृताय करपाचे वेगवेगळे उपक्रम सुरू आसात अशें सांगलें.

Forex – 90

देशाच्या परकीय चलन साठ्यात सुमार 4.5 अब्ज अमेरिकन डॉलर वाड जावन 702 अब्ज अमेरिकन डॉलर परस चड जाला. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन जाहीर केल्ल्या सप्तकी सांख्यिकी पूरक प्रमाण फाटल्या सप्तकांत भांगराच्या सांठ्यांतय सुमार 6.18 अब्ज अमेरिकन डॉलर वाड जावन वट्ट 108 अब्ज अमेरिकन डॉलर परस चड जाल्या.स्पेशल ड्रॉइंग रायट्सांत 38 दशलक्ष अमेरिकन डॉलर्सची भर पडली,आनी 18 अब्ज अमेरिकन डॉलर परस चड जाल्या. मजगतीं, चलन मालमत्ता 1.69 अब्ज अमेरिकन डॉलरसन घसरून 570.4 अब्ज अमेरिकन डॉलर जाली.आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधीत केंद्रीय बँकेचो वाटो 30 दशलक्ष डॉलर उणो जावन 4.6 अब्ज अमेरिकन डॉलर जालो.

Rice –95

भारत आंतरराष्ट्रीय तांदूळ परिशद 2025 ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखे सावन नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमात जातली. फिलीपीन्स, घाना, नामिबिया, आनी गाम्बियाचे परराश्ट्र मंत्री दोन दिसांच्या कार्यावळींत वांटो घेतले अशे काल नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना शेतकी आनी प्रक्रिया अन्न उत्पादनां निर्यात उदरगत प्राधिकरण अपेडाचे अध्यक्ष अभिषेक देव हांणी सांगलें. भारत हो संवसारांतलो एक व्हडलो तांदूळ उत्पादक आनी निर्यातदार देशांपैकी एक आसा, जो 72 वयर देशांक पुरवण करता अशे तांणी सांगले

POSHAN – 55

सरकारान पोशण आनी प्रधानमंत्री मातृ वंदना येवजणे खातीर टोल फ्री हेल्पलायनचो नंबर बदलपाचो निर्णय घेतला. फुडल्या म्हयन्या एक तारखे सावन सध्याचो टोल फ्री हेल्पलायन नंबर 14408 च्या जाग्यार 1515 हो नवो हेल्पलायन नंबर आसतलो अशें बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान जाहीर केलां. या निर्णयाक लागून नागरिकांना मदत सेवा लक्षात दवरपाक आणि ताचो वापर करपाक सोपे जातले.

Nirmala GST – 65

फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांक लागून कर वेवस्था चड कार्यक्षम, समता आनी विकासाभिमुख जातली अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. त्यो काल उत्तर प्रदेशांतल्या गाझियाबादांत नव्या सीजीएसटी भवनाचें उक्तावण केल्या उपरांत उलयताल्यो. जीएसटी नोंदणी प्रक्रिया सोंपी, सुगम, आनी चड पारदर्शक करपा खातीर जीएसटी काउन्सिलान उपाय येवजण्यो मान्य केल्यात अशें तांणी सांगलें. एक सोपी जीएसटी नोंदणी येवजण फुडल्या म्हयन्याच्या एक तारखे सावन लागू जातली अशें सीतारामन हांणी सांगलें.

NHAI – 85

भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान (NHAI) आपल्या सगळ्या प्रादेशिक कार्यालयांक राष्ट्रीय म्हामार्गांचेर आशिल्ल्या टोल प्लाझांचेर म्हयन्याळ्या आनी वर्सुकी पासांची सविस्तर म्हायती दाखोवपाचे निर्देश दिल्यात. ही म्हायती टोल प्लाझाच्या प्रवेशदाराचेर,

गिरायक सेवा वाठारांत, प्रवेश वा भायर सरपाच्या बिंदू सयत स्पश्टपणान दिसपी सुवातेर सायनबोर्डांचेर दाखयतले अशें रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान सांगलां. हे सायनबोर्ड इंग्लीश, हिंदी, आनी प्रादेशिक भाशांनी प्रदर्शित करतले अशें मंत्रालयान सांगलां. हे बोर्ड बसवपाचे काम 30 दिसां भितर पुराय करपाक प्राधिकरणान आपल्या प्रादेशिक कार्यालयांक सांगलां. ही म्हायती हायवेयात्रा मोबायल अप्लिकेशनाचेरूय अपलोड करतले अशें मंत्रालयान सांगलां.

Odisha cyclone – 60

मंगळारा मेरेन बंगालच्या खाडींत चक्रीवादळ येवपाची शक्यताय आशिल्ल्यान ओडिशा सरकारान सगळ्या जिल्लो प्रशासनांक आनी खात्यांक हाय अलर्टार दवरल्यात. महसूल आनी आपत्ती वेवस्थापन मंत्री सुरेश पुजारी हांणी भुवनेश्वरांत सांगलें, फावो त्या प्रमाणांत आदार सामुग्रीची वेवस्था केल्या आनी सगल्या जिल्होधिकाऱ्यांक हाय अलर्टार दवरल्यात. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण बंगालच्या नैऋत्य खाडीचेर तयार जाल्लो उण्या दाबाचो वाठार आयज पश्चिम-वायव्येकडे सरकुपाची शक्यता आसा आनी आग्नेय आनी लागसारच्या मध्य बंगाल खाडीचेर उण्या दाबाच्या वाठारांत रुपांतरीत जावपाची शक्यताय आसा. आयएमडीन ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे सावन उण्यांत उणें तीन दीस ओडिशाच्या जायत्या जिल्ह्यांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

IMD – 30

भारतीय हवामान खात्यान आज केरळ, तमिळनाडू, अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, गुजरात, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

Cricket – 35

दादल्यांच्या क्रिकेटाट भारत आनी ऑस्ट्रेलिये हांचे मदल्या तीन एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मेचींच्या माळेतली निमाणी मॅच आज सिडनींत जातली. यजमान पंगडांन ही माळ आदीच 2-0 अशी जिखल्या.